

आशावादी प्रकाशन

# मनस्फोट

सियालिनी फेर्नांडीस

आशावादि प्रकाशनाचें डिजिटल पुस्तक

# मनस्फोट

## कविता

– सियालिनी फेर्नांडिस

**Manspott** - *A collection of Konkani poems written by* ***Cialini Fernandes, Goa****, transliterated & edited by* ***Valley Quadros*** *and published by Ashawadi Prakashan.*

(C) ASHAWADI PRAKASHAN

First Edition : 2022 (Digital)

Cover : Ashawadi

Layout : Enigma Creations

Pages : 58 + 2

For communication **Email**: ashawadi@gmail.com

**WhatsApp**: 7021967880

# मनस्फोट (– प्रस्तावन)

सियालिनी फेर्नांडीस हाचो मनस्फोट हो काव्यझेलो उजवाडाक येता, हाची खोस आमकां दर एक कोंकणी मनशाक जावंक फाव. ज्या कोंकणी वाठारांतल्यान सियालिनी येता तो वाठार तशेंच समाज कोंकणी साहित्यांत जसो व्यक्त जावंक जाय तसो व्यक्त जाल्लो ना. ह्या समाजांतलो संघर्श, दूख, त्रास, वितराग आजूनय कथा–कवितेंतल्यान मांडूंक आमी फाटीच उरल्यात, म्हणून सियालिनीक खेरीत येवकार फावता.

सियालिनीच्या ह्या काव्यझेल्याक नवेपणाचो, तरणेपणाचो परमळ आसा.ताच्यो चडश्यो कविता ताच्या अणभवांचेर आदारून आसात. मोग, ही मनशाल्या मनांतली चैतन्यशील अशी भावना. मनशाल्या मनांतल्या ह्या भावनेच्या आदारान सैम आपलें सातत्य तिगोवन दवरता.

ह्या कविता झेल्यांतल्यो चडश्यो कविता एक तरेचो विरह राग गायतना दिसतात, चडश्यो कव्ता आत्मनिश्ट आसात. ह्या काव्य झेल्यांतल्या दर एका कवितेंत एक प्रियकर आसा. तो तिच्या मोगिकेक सोडून गेला. तो कित्याक गेलो, खंय गेलो, केन्ना परत येतलो हाची खंयचीय जाप तिचे कडेन ना आनी मेळपाची अपेक्षाय ना. ह्या सगळ्या प्रस्नांच्यो जापो आपले–आपूणच सोदपाचो यत्न ती आपल्या कवितेंतल्यान करता. एकेकदा ताका दुशण दिता तर एकेकदा तूं सोडून गेलो पूण जिवनाचें तत्वगिन्यान शिकोवन गेलो म्हूण खोशी जाता.

ह्या काव्यझेल्यांत मनाचें पांचवेपण, ताजें नवेंपण उक्त्यो करून दाखोवपी कांय सोबीत कवनां आसात, जीं आमकांय जिणेकडेन पळोवपाची नवी नदर दितात.
देखीक–

शेड्ड्या वरीं तुवें आपलो रंग बदल्लो
म्हज्या मनांत मोगाची किट्ट पेटोवन

खंय रे तूं खिणां भितर पळ्ळो?

आनी

लग्नांत पडटा फूट,
ताचो परिणाम
घटस्फोट.
तशेंच मनांत वाडटा घूट
ताचो परिणाम
मनस्फोट.

हांव बाय सियालिनी फेर्नांडीसाक परबीं भेटयतां. आनी जशी ताची जीण परिपक्व, अणभवान समृध्द जायत वतली, तशी तशी नव्या-नव्या काव्य नखेत्रांचो परजळ ती आमचेर जडयत रावतली म्हूण आस्त धरतां.

**प्रा. राजश्री महाबळेश्वर सैल**
कोंकणी विभाग मुखेली आनी असोसियेट प्रोफेसर
फादर आग्नेल म्हाविद्यालय,पिलार गोंय

# ओळोक – सियालिनी फेर्नांडीस

जल्म तारीख– २९ मार्च १९९६

जल्म गांव– मडगांव

मुळावें आनी माध्यमीक शिक्षण– प्रेजेनटेशन कोनवँट हाय स्कूल, मडगांव–गोंय. (७०%)

उच्च माध्यमीक शिक्षण– कार्मेल उच्च माध्यमीक विद्यालय,नुवें–गोंय. (६९.०८ %)

बी.ए– कार्मेल म्हाविद्यालय (७४.०७ %)

एम.ए– गोंय विद्यापीठ,ताळगांव पठार,पणजी–गोंय. (६६.१०%)

नाय्टिंगेल ऑफ गोवा कोंकणी गीत गायन सर्तीचें २०१९ वर्सा फाय्नलिस्ट

यू–ट्युबार दोन कोंकणीं कांतारां आसात:

https://www.youtube.com/watch?v=Z0q90-fpRJ4

https://www.youtube.com/watch?v=Yo3prqzcyvI

संगीतांत, पियानो वाद्य वाजोवपाची पदवी जोडल्या.

पणजी दुरदर्शन केंद्राचेर काम केलां.

२०१९–२०२०, २०२०–२०२१ ह्या शिक्षणीक वर्सांनी कार्मेल म्हाविद्यालयांत सहाय्यक प्राध्यापक म्हणून कोंकणी विशय शिकयला.

अंदुच्या वर्सा कार्मेल म्हाविद्यालय तशेंच चौगुले म्हाविद्यालयांत, सहाय्यक प्राध्यापक म्हणून वावर करतां.

“जाग” म्हयनाळ्याच्या २०२१च्या अंकांत, अणकारीत लेख उजवाडाक आयला.

भांगरभूंयचेर कविता तशेच हेर लेख प्रकाशीत जाल्यात.

# उतरां मनांतलीं (मनोगत)

देवनागरी तशेंच कन्नड लिपींत म्हजो पयलोच कवितांचो झेलो, ई–स्वरुपान उजवाडाक हाडटना मनाक खूब खुशालकाय भोगता. पदां घडपाची, कांतारां बरोवपाची म्हाका पयलीच सावन आवड, पूण पदां /कांतारां बरोवप आनी कविता बरोवप हातूंत खूब फरक आसता हें म्हाका ह्या पुस्तकांतल्यो कविता रचतना जाणवलें. कांतारां घडटना लय, ताल, सूर हांचो मेळ घडून पुराय प्रसंग बारिकसाणेन आयकुप्या मुखार मांडूंक येता. तर कविता मर्यादीत आकाराची आसून ती जाता तितले मोठवे रितीन वाचकां मुखार दवरप तशेंच आपलीं पुराय भावनां थोड्याच कडव्यां भितर व्यकत करप हाची काळजी घेवंची पडटा.

खरें सांगचें म्हणल्यार कविता हो साहित्य प्रकार म्हाका तितलो जमना. कित्याक कविता वयल्या वयर वाच्चे परस तिचो मूळ अर्थ समजप हें चड म्हत्वाचें आसता. जें चडशा सादारण वाचकांक धपक्याक सुचना. पूण म्हज्या मनांतलो संघर्श, म्हज्यो भावनां दुसऱ्यांच्या मनामेरेन पावोवपाचो मार्ग होच, म्हणून हट्ट धरून ह्या पुस्तकांतली दर एक कविता हांवें रचल्या.

ह्या झेल्यांतल्यो कांय कविता म्हज्या स्वताच्या अणभवांचेर आदारिल्ल्यो आसात तर कांय कविता काल्पनीक विशय घेवन गुंथिल्ल्यो आसात. झेल्यांतल्यो कविता “मोग”, “घात” सारकेल्या विशयांक स्पर्श करतात. दर एका मनशाक आपल्या जिणेच्या प्रवासांत एकदां तरी मोग जाताच. पूण गरजेचें नी की पयलोच मोग निमाणे मेरेन तिगता. कांय फावटी वर्सां– वर्सांचें नातें तुटूंक शकता, तर कांय फावटी मोग करप्यां मदें फूट पडटा. केन्ना–केन्ना पयलो मोग येशस्वीय ठरता. असल्याच प्रसंगांचो अणभव म्हज्या जिवितांत म्हाका आयला आनी तो उतरांनी व्यक्त करपाचो प्रयत्न हांवें म्हज्या कवितांनी केला. दुखिल्ल्या काळजांतले विलाप कितले खर आसता, हाचें पडबिंब म्हज्या कवितांनी झळकता.

कोंकणी भाशे खातीर आनी साहित्या खातीर योगदान म्हणून म्हजो हो सुपुल्लो कवितां झेलो हांवें खूब मोगान तयार केला. तुमकां ह्या झेल्यांतल्यो कविता सरळपणान समजुपा खातीर सादे-सोंपे शब्द हांवे कविता गुंथतना वापरल्यात. हो झेलो हांव म्हज्या कोंकणी विद्यार्थ्यांक भेटयतां. म्हज्या वावराक तुमी बरो प्रतिसाद दितलीं अशे म्हजे आंवडे. म्हाका प्रोतसाहन आनी मार्गदर्शन दितल्या म्हज्या शिक्षकांक हांव दिनवासतां. तशेंच म्हज्या कुटुंबान म्हाका हें पुस्तक उजवाडावंक उत्तेजन दिल्ले खातीर, हांव तांचें चड उपकारी.

म्हज्यो कविता ई-स्वरुपान उजवाडावपा खातीर आशावादी प्रकाशनान फुडाकार घेतिल्ले खातीर हांव तांचे उपकार आटयतां.



## – सियालिनी फेर्नांडीस

# १. मनांतलीं उतरां

मनांतलीं उतरां मनांतूच उरलीं
कितलेच फावटी सांगपाचो यत्न केलो
पूण ओंटांतल्यान भायर ना तीं फुटलीं.

ह्या उतरांनी मन आयज जड जालां,
तुका ताचे वेंगेंत पळोवन
काळीज म्हजें खूब रडलां.
वेळाचें मोल कितें तें,
तुवेंच म्हाका शिकयलां.

मनांतलीं उतरां मनांतूच
कित्याक उरलीं काय?
सांगूंक तीं, उशीर केल्ल्यान
काळजाक आतां पडल्या घाय.
मोगाचेर म्हज्या जालो अन्याय.

देखून मनांतलीं उतरां
वेळ वगडायनासतना,
थंयचे-थंयच
सांगूंक जाय.

# २.तूं परत येतलो देखून

तूं परत येतलो देखून
काळजाचें दार हांवें उक्तेंच सोडलें.
दीस गेलें, म्हयने गेले,
वर्सांय गेलीं....
पूण तूं आयलोच ना.

काळजाचें दार म्हजें
अजून उक्तेंच आसा,
दाराची खिळी मात कळमेल्या.
दाराचें मदेरूय भितरल्यान आतां पोकळ जालां.

"एकूच वियाझ्य मारून येता"
अशें सांगून तूं गेल्ल्यान,
मन तेन्ना खुशाल जाल्लें.
तूं येतलोच, ह्या विश्वासान
हांव तुकाच रावलें....
पूण तूं आयलोच ना.

तुका रावतां, रावतां
नेणटेपण म्हजें निसरूंक लागलें.
"हांवें म्हजो फुडार केलो"
हें म्हाका कळोवंक, तुका एकूय फावटी ना गावलें?

# ३.खबर तुजी आयकून

खबर तुजी आयकून
दोळ्यांत दुकां भरून आयलीं.
ह्याच दोळ्यांनी हांवें तुजें चित्र रंगयिल्लें.

हातांची ल्हंव उबी जाली,
ह्याच हातांनी तुजी हांवें पुजा केल्ली.

ओंटाचेर मौन पातळ्ळो,
ह्याच ओंटांचो तुवें उमो घेतिल्लो.

थोड्या खिणां खातीर कानूय भेरेले,
ह्याच कानांनी मोगाचीं उतरां तूं उलयिल्लो.

खबर तुजी आयकून
काळीज म्हजें उचांबळ जालां,
विचारांच्या भुंयेरांत
मन म्हजें घुस्पलां.

मोगाची भास तुजी, फटींग आशिल्ली
इतलेंच म्हाका जाणवलां.

# ४.म्हाका वायट दिसूंक ना

कॉलेजिंतलो मोग आमचो,
तीन वर्सांचो...
चिंतिल्लें आमी कॉलेज सोंपताच
लग्न जावन, ल्हानूच आमचो
संवसार रंगोवपाचो.

एकाच वर्गांत आमी शिकलीं,
तीन वर्सां कशीं गेलीं
कांयच कळ्ळें ना.

अजुनूय याद आसा म्हाका,
कॉलेज सोंपतकच तुवें आनीकूय शिकपाची
आपली उमेद उक्तायिल्ली.
म्हाकाय आयकून खोशी जाल्ली.
तुज्या अदीक शिकपाच्या विचाराचेर
म्हजी कसलीच आडखळ नाशिल्ली.

तूं शिकून आयज खूब मुखार पावला,

हांव मात फाटींच उरलां.
वांगडाक फुडार करपाचें आमचें सपनूय
अर्दे वाटेरूच भंगलां.

पयस तूं आशिल्ल्यान,
नातें आमचें तुटिल्ल्यान,
संपर्क तितलो जावंक शकलो ना.

तुवें आपलो नंबर बदल्लो
पूण म्हाका कांयच सांगूंक ना.
आपल्या मनांत कोण दुसरें गेलां
हेंवूय केन्ना तुवें म्हाका कळोवंक ना.

हालींच, आमच्या वर्गांतल्या वांगड्यांनी
"कोंग्रेच्युलेशन्स" म्हणून,
तुज्या लग्नाचो फॉटो वॉट्सेपार घातलो.
तरीय हांव नकळो,
म्हाका मातूय वायट दिसूंक ना.

# ५.फूल मोगाचें

म्हज्या काळजांतल्या पोरसांत
फुलांचो एक रोंपो फुल्ला.
तातुंतलें सगळ्यांत परमळीत,
सगळ्यांत सोबीत फूल, तूंच ...

तुजीच हांव हेरां परस
चड अपुरबाय करता,
तुकाच हांव तोखेता,
तुकाच उपाट म्हज्या मोगान हांव शिंपता.

अचकीत एका विचारान
मनांत म्हज्या भंय घालो.
"फूल तें, केन्ना तरी भावतलेंच
ना जाल्यार कोणूय तरी
तें तोडून व्हरतलोच"

हे खातीर हांव तुजी अदीकूय चड
काळजी घेवंक लागलें.
पूण मनांतलो दुबाव सत्यान घडूंक
इल्लोय वेळ गेलो ना.

इतलो जीव घालूनय तुजेर,
हांव तुका म्हजो करूंक पावलें ना.

काळजांतल्या पोरसांतल्या फुलां मदीं,
म्हजें सगळ्यांत आवडिचें फूल,
कोणें, केन्ना हुमटावन व्हेलें,
हें म्हाका कळ्ळेंच ना.

# ६. बसींतलो प्रवास

ल्हारां मोगाचीं काळजांत उफेत आसात
चिंतना तुजीं, मनाक म्हज्या
मातूय थार दिनात.
न्हिदूंक गेल्यार, न्हिदूय येना
दोळ्यां मुखार तुजेंच मूख परजळटा.

तुका हांवे बसींत पळयलो.
फोनार तूं कोणा लागीं,
कितें तरी उलयतालो.
म्हजे कुशीक रितें सीट पळोवन
येवन तूं म्हजेशीं बसलो.

इतल्यानूच म्हजें काळीज
धडधडूंक लागलें,
मनांतूय खोशयेचें कीर्ण फांकलें,
तुजे लागी उलोवचें अशें,
म्हाका मनांतल्यान दिसलें.
पूण तूं फोनाचेर आशिल्ल्यान
हांवूय वोगीच रावलें.

कण्डक्टर टिकेट मारूंक आयलो,
म्हजे लागीं मोडचे नाशिल्ल्यान
तुवेंच म्हजी टिकेट काडली.
तेन्नाच आमच्या दोळ्यांची भेट घडली.

"देव बरें करूं" म्हणटाच,
तुजें स्टॉप आयलें.
तेन्ना दिल्ल्या मुमुरक्या हांश्यानूच
म्हजें मन तुवें जिखून घेतलें.

# ७. तुजे उपकार

मनांत खेळटात तुजींच उतरां,
दोळ्यांतूय फक्त तुजेंच चित्र
खोशयेन भरून काळीज म्हजें
गायता तुजेंच गीत.

मोगाच्या पाळण्यांत तुवें म्हाका धोलयलें
केन्ना हांसयलें, केन्ना रडयलें
तुटिल्लें काळीज म्हजें,
तुवेंच तें परत घडयलें.

काळखाचीं कुपां
काळजार म्हज्या धाटिल्लीं.
रंगयिल्लीं सपनां म्हजीं,
एकान–एक फुटिल्लीं.

तितले म्हणसर, कळय नासतना,
सगळीं म्हजीं दुकां तुवें
आपलीं करून घेतिल्लीं.

तुवेंच म्हाका परत एक फावट
हासूंक शिकयलें,
तुवेंच म्हज्या काळजांतलें दूख
पयस शेवटून उडयलें.

तुवें शिकयिल्लो मोगाचो पाठ
इतलो सोबीत आशिल्लो की
म्हजें फाटलें जिवीत विसरून,
हांव तुकाच लागून फुडें सरूक पाविल्लें.

# ८. तूंच तूं

तुवें दिल्लीं फुलां भावल्यांत जायत
पूण तुवें म्हजेर केल्लो मोग
अजून अज्रंवर आसा.

तुजें दर एक उतर
अजून म्हज्या मनांत
मोगाची किट्ट पेटयता.
तुजी सुर्या सारकी तेजिश्ट नदर
अजून म्हजें काळीज
चिरून उडयता.

तुज्या तोंडावेलो तो मंद हांसो,
अजून म्हाका पिशें लायता.
तुवें लायिल्ल्या परमळाचो घमघम,
अजून म्हज्या नाकांत तसोच रिगता.

वर्सां कशीं धांवलीं हें कळ्ळेंच ना
तुजो मोग जायत सावन
काळीज परत रडलेंच ना...

# ९. तुकाच लागून

तुकाच लागून म्हज्या सपनांचो
हांवें त्याग लेगीत केलो,
"बायल मनीस तूं,
इतलें शिकून कित्याक उपकारता?"
हो प्रस्न तुवें तेन्ना म्हाका विचारलेलो.

तेन्ना म्हजे लागीं त्या प्रस्नाची
जाप नासली जायत
पूण तुकाच लागून
आयज ती जाप म्हाका कळूंक पावल्या.

"मनशाचो सांगात आसूं वा नासूं,
शिक्षणाचो सांगात आसल्यार
बऱ्यांतली बरी नोकरी
चलयेकूच रावल्या."

# १०.मनांतल्या मनांत

मनांतल्या मनांत हांव म्हाकाच निरखितां
खंयच जर हारसो दिसलो जाल्यार
तातूंत म्हजें पडबिंब पळोवन
हांव एकठेंच मुरगट्टां.

"कितले सुंदर म्हजे दोळे,
कितले नाजूक म्हजे ओंट"
हें मनांतल्या मनांतूच हांव चिंत्तां.

ह्या दोळ्यांक फक्त तुकाच पळोवपाची उत्सुकताय आसता.
ह्या ओंटांचेर फक्त तुजेंच नांव
परतून–परतून खेळटा.

"कसलें पिशें तुवें म्हाका लायलां काय?"
हो प्रस्न हांव म्हाकाच विचारतां.
"तुज्या दोळ्यांनी हांव कशें दिसता कांय?"
हें जाणा जावंक हांव आशेतां.

# ११.तुजीं उतरां

तुजीं तीं कडवी उतरां
आजून म्हज्या कानांत घुणघुणटात.
तुवें केल्लो म्हजो खिणयाळो मोग
आजून म्हज्या काळजांत भुंयकांप हाडटा.

तुज्या दोळ्यांतल्यान,
बाण मोगाचो
तुवें म्हज्या काळजांत रिगयलो.
पूण तुज्याच उतरांनी
तुवें रिगयिल्लो तो बाण
काळजांतूच म्हज्या
दोन कुडक्यांनी मोडून उडयलो.

तूं इतलो बदलतलो
हें हांवें केन्नाच चितूंक ना.
म्हाका सांडून वतलो
हेंय म्हाका केन्नाच दिसूंक ना.

मोगाचे बोल, रागाचे जाले
कारण कितें? कांयच समजूंक ना.

तुजीं उतरां म्हज्या काळजाक तोपलीं,
हातूंत मातूय दुबाव ना.

# १२.पावलांच्यो खुणो

पावलांच्यो खुणो तुज्यो
काळजांत म्हज्या दसल्यात.
यादी आमच्या मोगाच्यो
मनांत हांवें पोसल्यात

तूं घडयेक म्हाका विसरलो जायत,
दिल्लें उतर तुवें मोडलें जायत
पूण म्हाका सगळें याद आसा.

तुजे सांगाताक सारिल्लो
एक-एक खीण
म्हाका आजून याद आसा.
तुवें मोगान उलयिल्लें
एक-एक उतर
म्हाका आजून पाठ आसा.

हालीं हालीं पावलांच्यो खुणो तुज्यो
काळजाक म्हज्या जडाय हाडूंक लागल्यात.
ल्हव ल्हव त्यो म्हाका फाट करून
खंयचे तरी अनवळखी वाटेंत पावल्यात.

# १३.तुका जाय तशें

दिसता म्हाका अशें
हांव वागलें तुका जाय तशें
हांव न्हेसलें तुका जाय तशें
हांव रावलें तुका जाय तशें.

सगळें केलें,
तुका जाय तशें
देखून घडयेक समजलें
तुवें म्हाका पिशें.

पूण शिकिल्लें भुरगें
पिशें जायत कशें?
कितलो वेळ म्हणून तें
अन्याय सोशीत अशें?

चड वागलें म्हणून तुका जाय तशें
धर रातचें आतां दुकांनी वोलें जाता म्हजें उशें.

# १४.अस्तीत्व म्हजें

तुजे विणें अस्तीत्व म्हजें
दिसूंक लागलां एक भारादीक व्हजें

कितें उणें पडलें कांय मोगांत म्होज्या?
एकसुरें तुवें सांडलें म्हाका,
दिली मोगाची निश्टूर सोज्या.

म्हाकाच प्रस्न हांव विचारीत आसता,
पूण जाप मात म्हजेकडेन नासता.
इतलें सगळें करून तुका,
निमाणें कितें गावलें म्हाका?

# १५.तुजो सांगात

तुजो सांगात मेळत तर हांव
झुजाक देखून सगळ्यांत मुखार
तुजो सांगात जिखूंक
सगळेंच हांव हारपाक तयार .

तुजो सांगात जिणेंत म्हज्या
मोगाची झर व्हांवयता,
तुजो सांगात तोंडार म्हज्या
परजळीत किर्णां फांकयता,
तुजो सांगात काळजांत म्हज्या
सपनांची दिवली पेटयता.

झाडांक जाय वार्याचो सांगात
दर्याक जाय ल्हारांचो सांगात
धर्तरेक जाय पावसाचो सांगात
तशेंच म्हाका जाय तुजो सांगात.

# १६.तुजी वाट पळयत

तुजी वाट पळयतां पळयतां
दीस आशिल्ली रात जाली.
भुकेचो हुस्को ना,
तानूय आजून लागूंक ना.

केन्ना-केन्ना दिसता म्हाका
दुयेंस बा लागूंक ना?

मन मात दिगंतराक पावलां
तुजी वाट पळयत-पळयत
हांव म्हाकाच विसरलां.

# १७.याद तुजी

याद तुजी येता तेन्ना
मन म्हजें जड जाता
कितेंय दुसरें चितूंक
मागीर सामकेंच अवगड जाता.

दोळे म्हजे भरून येतात
पोल्यांचेर काळोख धाटूंक लागता
ओंटांचेर मोनेळ पातळटा
काळ, वेळ सगलेंच हांव विसरता.

याद तुजी येता तेन्ना
कितें करचें, कांयच सुचना
अशें चलत रावलें जाल्यार
लोक म्हाका एक दीस पिशें म्हणूंक लागतले
हातूंत मातूय दुबाव ना.

# १८.वीख

तुज्या हातांतलें वीख हांव
अमृत म्हणून पियेत रावलें
वेळ बरो आसलो देखून
नशिबान हांव वाटावलें.

आयज लेगीत मनांत म्हज्या
आजून ह्या विखाची भिरांत आसा.

अमृताच्या नांवार
कोण केन्ना आमकां वीख पिवयतलो
हाचो सदांच म्हाका हुस्को आसा.

# १९.मोगाचें पिशें

मोगाचें पिशें लागलां म्हाका
सांगून उडोवचें, दिसता तुका.
नांव आयकल्यारूच पुरो तुजें,
जेवण–खाण लेगीत दिसता नाका.

तूं आयला तेन्ना सावन जिणेंत,
मोगाचो लागला म्हाका जोर
तुजें मूख इतलें शांत
पळोवपाक दिसता कसो तूं
अपुरबायेचो एक ल्हान पोर

तुज्या दोळ्यांनी म्हाका सर्ग दिसता
तुजो स्पर्श जाता तेन्ना,
मनांत म्हज्या नवे हावेस उपजता.
हाता–पायांक घाम सुट्टा
कुडींत मोगाची आंकरी फुट्टा.

# २०.स्पर्श

तुजे कुडिचो स्पर्श जाय सावन
सांध्यांक म्हज्या थरथरो सुटला
दोळ्यांत हावेसांची किट्ट पेटल्या
मनांत सपनांचो चंवर फुटला.

तुजे कुडिचो स्पर्श जाय सावन
तुज्या विचारांनींच जग हांवें रंगयलां.
तुजे धुंदीन हांव भारावन गेलां.
तुजे भितर हांवें म्हाकाच शेणयलां.

# २१.घावो

निश्टूर तुजीं उतरां
शस्त्रा विणे म्हज्या काळजाक
दुखाचो घाव घालतात.

खूब कितें तुका सांगचें आसा
पूण तुजे मुखार
तोंडांतल्यान उतरां कोंसळटात.

तुज्या उतरांच्या बाणान
पयलीं काळजांत घावो घातिल्लो
आतां हो घावो
फोंडकुलांत बदल्ला.

हें फोंडकूल भरतां–भरतां
म्हजे भितरलें हावूंच,
रितें जावूंक लागलां.

# २२.इंग्लिशिंतलें इंग

मोग तुजो सारकोच लवींग
दिसताय तूं रोमियो भशेन एकदम चार्मींग

तोंडावेलो हांसो तुजो सदांच वॅलकामींग
दोळे मात नखेत्रांवरीं सारकेच हार्ट वॉर्मींग

तुजे वांगडा सारिल्लो दर एक खीण एक्सायटींग
तुका पळयत रावप कितलें तें सॅटिस्फायींग

तूं म्हाका सोडून वतलो हें चिंतूक लेगीत टॅरिफायींग
म्हजोच तूं उरचो म्हणून आय एम डॅय्ली प्रेयींग

केन्ना केन्ना भुरग्यां भशेन तूं सारकोच एनोयींग
तरी आसतना उलो करतां म्हणून तुका “ओ माय डार्लींग”.

# २३.वेळ

एक दीस असो येतलो
जेन्ना म्हजें उलोवप थांबतलें.

उपरांत रडून फायदो ना
कारण वेळ आसलो तेन्ना
तुका म्हजें मोल समजूंक ना.

# २४. तुजो हक्क

तुजें हांव रिणकारी
जें कितें तुवें म्हजे खातीर केलां
ताचे पासत
तुजें, हांव उपकारी.

तुजे खातीर मनांत म्हज्या
सदांच मान उरतलो.
सांगूक घडयेक हांव फाटी उरत
पूण तुजो हक्क, मोगा म्हजेर
सगळ्यांत पयलीं आसतलो.

# २५.नांव आयकतच तुजें

नांव आयकतच तुजें
खोशयेन काळीज ओत्ता म्हजें,
फुलत्या फुलाक परमळ जसो
म्हाका लागला तुजो वसो.

तुजें नांव इतलें गोड
कोणूय तें उच्चारतांच
हांव लागता लजूंक.
ओंटांक लेगीत आतां संवय जाल्या
गीत मोगाचें तुजेंच गावूंक.

तुजें नांव,
म्हज्या स्वासांत स्वास घालता.
तुजें नांव, म्हज्या ओंटांचेर हांसो फुलयता.
तुजें नांव,  म्हज्या मनांत तांडव घडयता.

नांव आयकतच तुजें, हांव
केन्ना उमेदीन हांसता,
केन्ना खोशयेन रडटा.

# २६.तें नातें तुटिल्लें

तूं खोटें उलोवन गेलो
पूण तुज्या उतरांतलें खोटेपण
तेन्ना म्हाका समजूंक ना.
खरेंच सांगतां तुका
तुजे भशेन खोटें उलोवंक
केन्नाच म्हाका जमलें ना.

भरपूर विश्वास टेविल्लो तुजेर
पूण तुज्या दळदीर करण्यांनी
तुवेंच तो तोडून उडयलो
मोगान बांदिल्लो बांद वर्सांचो
एकाच खिणान
मोडून उडयलो.

तुजें चिंतीत रडत हांव
दाराच्या हुमऱ्यार बशिल्लें,
स्वताकच धीर दीत
हांव म्हाकाच समजायतालें
"रडून फायदो ना बाय,
तें नातें तुटिल्लें"

# २७.अबुध्द मोग

तुज्या खांदार कांयच खिणां खातीर
हांवें म्हजी तकली भागयली
आंग आमचें चिप्प भिजिल्लें
थंडयेन आमी कुडकुडटालीं.

भोंवतणी काळोख धाटूंक लागिल्लो
फुलांचो परमळ वाऱ्यार पातळिल्लो
शेवणीं आपल्या घोंटेरांत परततालीं

खच्च! करून तुवें म्हज्या
भेंडाक हात घातिल्लो,
हांव अनमनलें हाचो
थाव तुका लागिल्लो.

अबुध्द मोग तो आमचो
नकळो केन्ना ओंट आमचे लागीं आयिल्ले.
मोगाचे बोल कानांत म्हज्या
तेन्ना तुवें गायिल्ले.

# २८.तुज्या हातांत

तुज्या हातांत तुवें
म्हजो हात घेतलो
तेन्नाच काळजांत म्हज्या
तुजो मोग पेटलो.

संवसाराच्या ह्या मोगाच्या प्रवासांत
तुजो सांगात म्हाका लाभलो
एकसुरें हांव शेणिल्लें
तुवेंच फुडलो मार्ग दाखयलो.

जग सोंपिल्लें वरीं दिसूंक लागिल्लें
पूण उमेदिचो प्रकाश तुवेंच फांकयिल्लो,
तुज्या खालत्या स्वभावाक लागून
मोग आमचो सासणाक तिगिल्लो.

# २९.मोग हो कसलो?

तुजो मोग म्हाका
वाऱ्यार धोलयता,
नदरेंतल्यान पयस आसलो तरीय
उपाट तूं म्हाका हांसयता.

दीस रात तुजोच हुस्को म्हाका आसता.
मन परत-परत तुजेशींच रे वोडटा.
मोग हो कसलो?
हो प्रस्न हांव स्वताक विचारीत आसता.

# ३०.कांटेच कांटे

मोगाच्या रस्त्यार कांटेच कांटे,
नातें जर तुटल्यार
काळजाचे जातात हजार वांटे
देखून
पावल मारतना
चिंतून मारचें
मोगान जर हारत जाल्यार
उपरांत कपलार हात मारून
जिवीत भर रडचें

# ३१.चिंत्ता हांव

तुजो फोटो हातांत घेवन
वरांचीं वरां हांव तिश्ट नियाळटां
पूण तुका म्हज्या मनांतले विचार
मातूय कशे ना कळटा?

चिंत्ता हांव,
काळजांतलीं भावनां व्यक्त करतलें,
विचार म्हजे तुका
कशेय भशेन सांगतलें.

चिंत्ता हांव,
तुका म्हज्या काळजांतलें
केन्ना तरी समजतलें?

गुपतीं तुजो मोग हांवें केला
म्हज्या मनांत पयलेच नदरेक तूं गेला
आतां म्हाका दिसता की
तुका हें कळोवपाचो सारको वेळ येयला.

# ३२.तुजे कडल्यान शिकचें

पयलें हांसोवन उपरांत कशें रडोवप
हें कसब तुजे कडल्यान शिकचें
मोगाचें उतर कशें मोडप
हेंय तुजेच कडल्यान शिकचें.

विस्वास घात कसो करप
हें तुजे कडल्यान शिकचें
निर्मळ काळीज कशें तोडप
हेंय तुजेच कडल्यान शिकचें.

म्हज्या दोळ्यांतल्यान दुकां कशीं गळोवप
हें तुजे कडल्यान शिकचें

चूक नासतना मनशाक दोशी कशें ठरोवप

हेंय तुजे कडल्यानूच रे शिकचें.

# ३३.मंत्र मोगाचो

तुज्या गोपांत हांवें म्हजें जग रंगयलां
तुज्या दोळ्यांनी हांवें म्हजें चित्र पळयलां

म्हजेर तुवें कसलो तरी मंत्र रे रुजयला
मनाक खोशयेचीं पाखां लावून
तूं दिगंतरा उडून गेला .

तुज्यो यादी घेवन
आसा हांव चलत.
रुतू बदल्ले,
धवाचें जालें वत.
तुज्या मोगाचें,
म्हज्या काळजार पडलां काळें खत.
तुज्या विचारांनी मन म्हजें इतलें रंगलां
पिशें जावपाची जाल्या
आतां म्हजी गत.

# ३४.शेड्डो

शेड्ड्या वरीं तुवें आपलो रंग बदल्लो
म्हज्या मनांत मोगाची किट्ट पेटोवन
खंय रे तूं खिणां भितर पळ्ळो?

# ३५.तुवेंच म्हाका शिकयलां

एकाच खिणान मोगाचे नेम तुंवे तोडले
दिल्लें उतर धपक्याक तुवें मोडलें
तुजें चिंतून हांव भरपूर रडलें
अशें आमचें नातें कित्याक रे तुटलें?

तुज्या मनांतलें
केन्नाच तुवें म्हाका सांगूक ना.
म्हाका सांडून तूं ताचो जातलो
हेंय केन्नाच तुवें म्हाका कळोवंक ना.

आतां तुज्या यादिनी
मन म्हजें
निश्चल जालां.
तुज्या फटींग उतरांनी
जिवीत म्हजें अर्थहीन केलां.

हारशा मुखार दुकांच्यो झरी व्हांवयतना
हांवें म्हाकाच पळयलां,
मोग सगळ्यांचोच सफल जायना
हें तुवेंच म्हाका शिकयलां.

# ३६.उतर दितां

कसल्योय आडखळी आमचेर येवं
तुका म्हजो सांगात सदांच मेळटलो
हें हांव उतर दितां.

जिणेंतल्या कठिणांतले कठीण परिस्थितींत
तुजे वांगडा चिटकून हांव आसतलें
हें हांव उतर दितां.

दूख तुज्या माथ्यार बसकण मारता तेन्ना,
तुका आयकूंक कोण ना तेन्ना,
तुज्या उल्याक हांव रोखडेंच पावतलें
हें हांव उतर दितां

चुकून तूं म्हाका सोडून गेल्यार लेगीत
हांव तुजीच वाट पळयत रावतलें
हें हांव उतर दितां

# ३७.व्यथा म्हजी

तुटिल्लें काळीज,
पिसाट जाल्लें मन,
एकसुरी वाट हांव चलतालें

दिशा ना,
आशा ना,
म्हाकाच हांव खेपतालें

चिंतिल्लीं चिंतना,
सपनेल्लीं सपना,
भंगली म्हणून रडटालें

कोणाचोच आदार ना,
कोणाचोच सांगात ना,
परत हांव नव्यान घडटालें.

# ३८.मोग

मोग, रागाक लेगीत शांत करता
फातराक लेगीत मोव करता
मोग, सगळें वायट विसरून
तुटिल्लीं काळजां परत जोडटा.

मोग खर आसत जाल्यार
अजापां-मिलाग्री सतत घडटा.
तुजी भेट जाली तेन्नाच्यान रे
खोशयेन म्हजें काळीज उडटा,
ह्या दिसांनी हांव
हारशा मुखार अदीक नट्टा.

तुजे खातीर मोग म्हजो
दिसान दीस चड वाडटा.
नीज मोग कोणाचोय कसो करप
हें कसब तुजे कडल्यान शिकचें
अशें दुबावा विरेत म्हणचेंच पडटा.

# ३९.तुजी तुळा

तुजी तुळा हांव कोणा कडेन करूं?
तूं मोरा परसय अदीक सुंदर,
तुजी जायना करूंक कोणाकडेनच सर
तुका दोळे दिपकाय नासतना
तोखेत रावूंक जाता म्हज्यान रातभर.

काळीज म्हजें चोरलां तुवें
आतां कोण फारीक करतलो ताचेर कर?

तुजी तुळा करूंक शब्द कमी पडटात,
तुजेच विचार मनांत म्हज्या
अच्छेव रे कांडतात.

तूं शांत त्या व्हांवून वतल्या झऱ्या भशेन
तुजे व्यक्तिमत्व तेजिश्ट त्या सुर्या भशेन

तुजे भितर धिटाय आसा
तुजे भितर बळाय आसा
तुजे भितर परमेश्वराची सासाय आसा.

तुजी तुळा करूंक शब्द
बरोवंक लागलें जाल्यार,
म्हज्या कलमांतलें तींत लेगीत
जातलें काबार.

# ४०. सपन

जीण म्हजी तुकाच हांवें केल्या अर्पण
फांतोडे वेळार पडपी
अर्दकुटें उरिल्लें
अपुरें तूं सपन.

तूं म्हजो आदार
तूंच म्हजो फुडार
तुजेच वांगडा सपनां म्हजीं,
करतलें हांव साकार.

# ४१.वाट

तुवें सांगिल्ली तीच वाट
हांव दोळे धांपून चलिल्लें
फुडें पावलें......
पूण वाटेर तूं मेळ्ळोच ना.
वाट सोंपता, सोंपता
तुवें दिल्ल्या नकाश्याची
अचकीत म्हाका याद जाली..

खूब उसरां समजलें की
हांवेंच चुकिची वाट धरिल्ली.

# ४२.उमेदिचे सूर

खोश्येच्या हुवारांत
मन आयज उडटा
काळीज म्हजें ल्हव जालां
भितरले भितर धडधडटा.

सुलूस तुज्या येण्याची लागिल्ल्यान,
नवे होंकले वरीं हांव नट्टां
तुज्या विचारांनीच आंगांत म्हज्या
मोगाची कोमरी फुट्टा.

# ४३.घात

जें दोळ्यांक अदृश्य
तें काळजाक दिसूंक वेळ नाका.
तशेंच,
जें कानांक अश्राव्य
तें मनांत पारखूंक
कळटा म्हाका.

तुज्या म्होंवा सारक्या उतरांनी
हांव घड्येक फटवलें,
तुज्या फटींग सपनांनी
हांव घड्येक नागवलें,

घात घेवूंक मोन्यांनी म्हजो,
कशें तुका पुटवलें?

# ४४. दिवो

तूं येतलो ही खबर म्हाका मेळत सावन
पांय म्हजे जमनीक लागनात.
घरांतलो दिवो कितलेच दीस
तेला विणे रितो आशिल्लो.

तुज्या येवपाची खबर आयकून
दिव्यांत आयज ओतो मेरेन
हांवें खोबरेल तेल रखलां.
फक्त दिव्याचें तोंक मात पेटोवंक ना,
तें तुका पेटोवंक दवरलां.

ह्या पेटूंक राविल्ल्या दिव्या वरीं
हांवूय तुजे येवपाचे खोश्येन
उमेदीन भुल्लुसलां,
घराचें दार हांवें
तुकाच उक्तें सोडलां.

# ४५. मनस्फोट

लग्नांत पडटा फूट,
ताचो परिणाम
घटस्फोट.
तशेंच मनांत वाडटा घूट
ताचो परिणाम
मनस्फोट.

# धिन्वास तुमकां

आशावादी प्रकाशनाच्या डिजिटल मिसांवाक पाटिंबो दिलेल्या तुमकां समेस्तांक काळजामनाचे धिन्वास



- मानेस्त रोनालड कोलासो, दुभाय
- मानेस्त फेलिक्स लोबो, खतार
- मानेस्त मायकल डी'सोज, दुभाय
- मानेस्तीण मोनिका डे'सा मथायस, डबलीन
- मानेस्तीण मागदलेन बारबोज आनी कुटम, शीरवां
- मानेस्त रोनालड मोंतेरो, कटपाडी
- मानेस्तीण लिनेट डी'सोज, मुंबय
- मानेस्त स्टेनरो, अजेकार
- मानेस्त उदय म्हांबरो, गोंय
- मानेस्त कॊनी डि'कोस्ता आनि कुटाम, नवी मुंबई
- एक अभिमान